**प्री-मॅट्रीक आनी पोस्ट- मॅट्रीक शिश्यवृत्ती खातीर अर्ज मागयल्यात**

ता. 5 ऑगस्ट 2024

समाज कल्याण संचालनालयान कळीत केला की केंद्र/राज्य पुरस्कृत शिश्यवृत्ती येवजणो-2024-25 आर्थिक वर्सा खातीर ऑनलायन अर्ज 5 ऑगस्ट 2024 सावन स्विकारतले. समाज कल्याण संचालनालया वतीन अनुसुचीत जाती, हेर मागास वर्ग आनी आर्थिक मागास वर्गांतल्या विद्यार्थ्यां खातीर प्री-मॅट्रीक, पोस्ट-मॅट्रीक शिश्यवृत्ती ह्या केंद्र पुरस्कृत येवजणांची अंमलवजावणी करपात येता.

तशेंच शालांत आनी उच्च माध्यमिक मंडळांच्या परिक्षेत उच्च गुणवत्ता मेळयिल्ल्या एससी आनी धनगर समाजाच्या विद्यार्थ्यांक गुणवत्ता आदारीत पुरस्कार येवजण, गगन भरारी शिक्षा येवजण, होम नर्सिंग अभ्यासक्रम शिक्षण घेवपी एससी विद्यार्थ्यांखातीर कन्या धन येवजण, दिव्यांग विद्यार्थ्यांखातीर विद्यावेतन येवजण, एससी/ओबीसी विद्यार्थ्यांखातीर (पाचवी ते सातवी) सरल विद्या सहाय्य येवजणेची अंमलबजावणी करपात येता.

सगळ्यां संस्थां/शाळांनी विद्यार्थ्यांक पात्रताये प्रमाण शिश्यवृत्ती खातीर अर्ज करपाक कळोवचे. शिश्यवृत्ती खातीर अर्ज करपाक विद्यार्थ्यांनी https://cmscholarship.goa.gov.in चेर भेट दिवची. विद्यार्थ्यांनी आवश्यक दाखल्या सयत 30 नोव्हेंबर 2024 मेरेन अर्ज अपलोड करपाक जाय. सगळ्यां शाळां/संस्थां/महाविद्यालयांनी विद्यार्थ्यांच्या ऑनलायन अर्जांची तपासणी करून ता. 31 डिसेंबर 2024 मेरेन सुपुर्द करपाक जाय.

शिश्यवृत्ती खातीर अर्ज करपी विद्यार्थ्यांनी फकत राष्ट्रीयकृत बँकेचो अकाऊंट दिवपाक जाय आनी तो आधार कार्डाक जाडिल्लो आसपाक जाय. तशेंच आधार लींक केल्ल्याची पावती अपलोड करपाक जाय.

आर्थिक मागास वर्गांतल्यान (EBC) जे विद्यार्थ्यी पोस्ट-मॅट्रीक शिश्यवृत्ती खातीर अर्ज करतले , तांणी आपूण खंयचो वर्ग/समाजाचो आसा ताची स्वता हमी दिवप गरजेची आसा आनी आपूण एससी/ओबीसी/एसटी समाजातलो नाशिल्ल्याचे नमुद करपाक जाय.

केंद्र पुरस्कृत येवजणां खातीर कुटुंबाची वर्सुकीं येणावळ 2.50 लाखां वयर आसपाक फावना.

अर्ज अपलोड करपाक कसलीय तांत्रिक मदत जाय आसल्यार विद्यार्थ्यां/संस्थांनी 9423883386 ह्या मोबायल नंबरा वयल्यान तांत्रिक अधिकाऱ्याकडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/367

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.